आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा

Date :20/04/2026 प्रादेशिक खबरो 7.20 pm

मुखेल खबरो

विद्यार्थ्यांक फ़ावो त्या करिअर मार्गाचेर मार्गदर्शन केल्यार गोंय फुडल्या पांच वर्सांत बेकारीचेर मात करूक शकतले अशें मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

भायल्यान वक्ते हाडपी इव्हेंणट वाल्यांनी राज्याचो धर्मिक एकचार इबाडपी मनशाकं हाडचे न्ही अशें मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी कार्यावळी आयोजकांक आवाहन केलां.

२७ एप्रिल सावन सुरू जावपी बारावेची पुरवणी परीक्षा आता ६ मे सावन सुरू जातली अशे गोंय शालांत मंडळान कळीत केला.

लाखांनी भाविकांचे श्रदध्तास्थान आशिल्ल्या शिरगावचे श्री देवी लयराईची जात्रा फाल्यासावन सुरू जाता.

--------

रश्मी 140

विद्यार्थ्यांक फ़ावो त्या करिअर मार्गाचेर मार्गदर्शन केल्यार फुडल्या पांच वर्सांत गोंय बेकारीचेर मात करूक शकतले अशें मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. तांणी राज्यात करिअरविशी अधिक जागृताये निर्माण करपाच्या गरजेंचेर भर दिलो आनी शिक्षकांक नव्या संदीविंशी अद्ययावत रावपाचे आवाहन केले. सरकाराच्या 'कॅरियर जागोर उपक्रमाचेर भर दिवन मुखेलमंत्री हांणी शिक्षणतज्ञ आनी विद्यार्थ्यांक करीयर जागोर ह्या उपक्रमावरवी क्यूआर कोड स्कॅन करून नवे करिअर पर्याय सोदून काडपा खातीर ताणी उर्बा दिली. Byte- cm करीयर जागोर १८ सेक विद्यार्थ्यांच्या करिअराक आकार दिवपाक आनी उबारपाक शाळेची म्हत्वाची भुमिका आसा आनी विद्यार्थ्यांच्या करिअराक आकार दिवपाक आनी मार्गदर्शन करपाक शिक्षकांची मुखेल भुमिका आसा हाचेर भर दिवन शिक्षणाक वेवसाय म्हणून मानूंक फावना अशें मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. पयलीं उजो पालोवपी दळा खातीर पात्रताय

10 आनी12 व्या वर्गा मेरेन मर्यादीत आशिल्ली, पूण आतां ह्या वर्सा सावन आयटीआयंत उजो पालोवपी दळ आनी आपत्कालीन सेवांचो समर्पीत अभ्यासक्रम सुरू करतले अशें मुखेलमंत्र्यानी सांगलें. फुडल्या वर्सा सावन आयटीआयंत उजो पालोवपी सेवा हो एका वर्साचो अभ्यासक्रम सुरू करतले. उजो पालोवपी दळांत जवान म्हणून भरती जावपा खातीर हो अभ्यासक्रम पुराय करप गरजेचो करतले, अशे तानी सांगले

रश्मी ९५

भायल्यान वक्ते हाडपी इव्हेंणट वाल्यांनी राज्याचो धर्मिक एकचार इबाडपी मनशाकं हाडचे न्ही अशें मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी कार्यावळी आयोजकांक आवाहन केलां. तशेंच गौतम खट्टरान सेंट

फ्रांसिस झेवियराचेर केल्ल्या उलोवपाचेर एफआयआर नोंद जाल्ल्याचें तांणी सांगलें आनी योग्य कारवाय करपाची खात्री ताणी दिल्या. Byte- Cm २०सेक

गोवा कॉंग्रेसीन गौतम खट्टराआड ओल्ड गोवा पुलिस स्टेशनात कागाळ नोंद करुन राज्याची कायदो आनी सुवेवस्था तशेचं धर्मिक एकचार इबाडपी मनसाचेंर कारवाय करची अशी मागणी केला. जाल्यार आम आदमी पक्षान लेगीत खट्टर हांच्या विधानाचो निशेध केला जाल्यार विरोध पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी गौतम खट्टर हानचेंर गोंयात येवपाक बंदी घालची अशे म्हणला. Byte- yuri alemao 23सेक

जाण 110

२७ एप्रिल २०२६ सुरू जावपी बारावेची पुरवणी परीक्षा आता ६ मे सावन सुरू जातली अशे गोंय शालांत मंडळान कळीत केला. ह्या परीक्षेचे वेळापत्रक रोखडेच जाहीर करतले अशे गोंय शालांत मंडळाचे सचीव विद्यादत्त नाईक हाणी जाहीर केल्ल्या परीपत्रकात म्हळा. ऑनलायन अर्ज सादर करपा खातीर वेब पोर्टल www.gbshse.in २१ एप्रिल २०२६ मेरेन उक्तें आसतलें. ही परिक्षा गोंयच्या दोन मुखेल केंद्रांनी जातली: म्हापसा: डी.एम. सरोजनी एम.कुशे उच्च माध्यमिक शाळा, आनी सरकारी बहुउद्देशीय उच्च माध्यमिक शाळा, बोर्डा, मडगांव. फकत मार्च 2026 परिक्षेंत अपेस आयिल्ले वा ग्रेड सुदारपाक सोदपी विद्यार्थीच हे परिक्षेक पात्र आसतले. चड म्हायती खातीर विद्यार्थ्यांनी आपापल्या उच्च माध्यमीक शाळे कडेन संपर्क सादचो वा मंडळाच्या अधिकृत संकेतथळाक भेट दिवंची अशे गोंय शालांत मंडळान कळीत केलां.

रश्मी १०५

आयज म्हापशेच्या मिलाग्रीस सायबीणीचे फेस्त. म्हापसा सेंट जेरोम इगजेंत मिलाग्रेस फेस्त जाता. हे फेस्त (फेस्ट ऑफ अवर लेडी ऑफ मिराकल्स) म्हण मनयतात. ह्या फेस्तावरवी खाशेले मिस, मिरवणूक, प्रार्थना तशेंच हेर धर्मिक कार्यावळी जातात. मिलाग्रीस सायबीण ही देवी लईराईची भयण अशे मानतात. फेस्त त मिलाग्रीस सायबीणीच्या मुर्तींचेंर तेल घालपाचे , तशेचं तीच्य सामकार वाती पेटोवपाची प्रथा आसा. तशेंच आंगवणीच्य रुपात मेणाच्यो कुडीच्य आकाराचे अवयव दिवपाची धर्मिर प्रथा बऱ्याचश्या तेपासांवन चलता.

मिलाग्रीस सायबीणीचे फेस्तांक पुरुमेताचे फेस्तुय म्हण ओळखतात. पावसा पयली लागपी पुरुमेताच्यो वस्तु जशे की मिरसांग्यो, खारे, कांदे, तशेंच हेर गावठी गोंयची पिकावळ हांग विकपाप येता. हालीसाराक फर्निचर, तशेंच कपडे आनी खेळणी चड दुकाना ह्या फेस्तात आसतात.

अंदु मिलाग्रीस सायबीणीच्या फेस्ताच्या फकत एक दीस उपरांत म्हणल्यारुच फाल्या २१ एप्रिलाक शिरगांवांतल्या श्री देवी लईराई देवळांत जात्रा आयल्या

राजेश 100

गोय महाराष्ट्र तशेंच कर्नाटक राज्यातली फामाद जात्रा म्हणून नामनेक पावील्ली शिरगावची श्री लयराई जात्रेक फाल्या 21 एप्रिल सावन सुरू जाता. देवीची जात्रा 21 ते 25 एप्रिल 2026 या पाच दिसांमदीं जातली. शिरगावच्या जात्रेसंबंधीची सगळी तयारी पुराय झाल्या अशी माहिती देवस्थान समितीचे अध्यक्ष दीनानाथ गावकर हाणीं दिली. अनु वर्सा सरकारी यंत्रणा सज्ज आसा. देवस्थान समितीच्या जोडपालवान लहराई देवीची जत्रा यशस्वीपणान आयोजित जातली असो विश्वास देवस्थान समितीचे अध्यक्षनी परगटायला. येरादारी खाते ,भलायकी खातें,उजो पालोवपी दळ तशेंच हेर सगळयौ सरकारी यंत्रणा पुराय तरेन सज्ज आसा आणि मोठ्या भक्ती भावन तसेच उमेदीन ही जात्रा जातली असो विश्वास तानी उक्तायला.

रश्मी 100

.मजगती हे जात्रेचे फाटभूयेर कायदो आनी सुवेवस्था राखपाक तशेंच शांतताय राखपाक उत्तर गोंय जिल्होधिकारी अंकित यादव हांणी विशेश आदेश जारी केल्यात. ते प्रमाण शिरगांव आनी हेर वाठारांतल्या पांच मुखेल गांवांनी सोऱ्याचीं एकान एक दुकानां, तार्वेर्न, बार थारावीक काळा खातीर बंद दवरतले. जिल्लोधिकाऱ्यांनी भारतीय नागरी सुरक्षा सं-हितेच्या कलम १६३ खाला हो निर्णय घेतला. तो शिरगांव सयत मुळगांव, मयां, खोर्जुवें आनी अस्नोड्यां वाठारांक लागू आसतलो. हे निर्बंध २० एप्रिलाक सांजेवेळार ६ वरां पसून लागू जातले आनी २२ एप्रिलाक दनपरां १२ वरां मेरेन आसतले. जात्रेच्या काळांत कसलेच तरेचो वायट प्रकार घडचो न्हय आनी भाविकांक सुरक्षीत वातावरणांत दर्शन घेवपाक मेळचें, हे खातीर हें पावल उबारलां.

प्रसाद ७५/१६५

आयचो विद्यार्थी बुदवंत, हुशार आनी तंत्रगिन्यानाचो सहजपणान आत्मसात करपी. पूण हें सगळें संस्कृताय आनी देशभक्ती वांगडा जोडलें ना जाल्यार ह्या विद्यार्थ्यांची, आमचे फुडले पिळगेची सर्वांगीण उदरगत शक्य जावची ना. देशभक्त पिळगी निर्माण जाली ना जाल्यार संवसारीक सर्तींत आमचो देश जियेवंक शकचो ना. हे खातीर नवे पिळगेक भुरगेपणांतल्यान सतत रुजोवंक जाय. पयलीं घरांत आनी शाळेंत तांकां संस्कृताय मेळटाली. पूण आयच्या बदलत्या युगांत पालकांक घरांत वेळ मेळना आनी जायत्या शाळांनी अभ्यासक्रम पुराय करपाच्या ताणांतल्यान संस्कृतायेक चड लक्ष दिवंक शक्य ना, देखून संस्कृती शिबिर आनी तातूंतल्यान मेळपी संस्कृताय खूब गरजेची अशें बोरी हिंदू संघटणान आयोजीत केल्या संस्कृती शिबिरांत मुखेल सोयरे श्री विनोद पोकले हांणी सांगलें. दर वर्सा आयोजीत जावपी ह्या दोन सप्तकांच्या शिबिराक हे खेपे व्हड प्रतिसाद मेळ्ळा आनी पयल्या दिसाच 49 विद्यार्थ्यांनी नोंदणी केल्या. ह्या शिबिरांत खेळ, स्तोत्र वाचन, भजन, अभंगा, डिंडी, कलाकृती, योग, कथा अशे वेगवेगळे विशय आसतात . फुडले पिळगेक संस्कृतीक नदरेन सक्षम करपा खातीर आयोजकांनी बोरी आनी भोंवतणच्या वाठारांतल्या

भुरग्यांची व्हड प्रमाणांत नोंदणी करपाचें आवाहन केलें. हें शिबिर फुकट आसून तें वेगवेगळ्या संघटनांनी आनी पालकांनी प्रायोजीत केलां.

Ek kalovni

आकाशवाणी पणजी- 60

आकाशवाणी पणजी 'कॅज्युअल असाइनीज', न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर ह्या वर्गवारीत तात्पुरत्या कराराचेर एम्पॅनलमेंट खातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयला.
उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. ताची पीराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान आसचें तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे 2026. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

खेळ १५
आयपीएल क्रिकेट सर्तीत आयज सांजे7:30 वरांचेर अहमदाबादेच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमांत गुजरात टायटन्स आनी मुंबय इंडियन्स पंग्दमदि खेळ जातलो
हवामान ४०

तमिळनाडू, कर्नाटक आनी महाराष्ट्र हांगा तयार जाल्ल्या उण्या

दाबाच्या पट्ट्याक लागून फुडले तीन दिस राज्यांत गडगड मारून पावस पद्पाचो अदमास पणजी वेधशाळेन उक्तायला. हे फाटभुंयेर 23 एप्रीलाक पावसा खातीर 'yellow alert' जारी केला .तशेच वराक 30 ते 40 किलोमीटर वेगान वारें व्हांवपाचो अदमास आसा.

----